**मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक ईद-उल- फित्रची परबीं**

ता. 20 मार्च 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लीम समाजातल्या बांधवांक ईद-उल-फित्र सणाची परबीं भेटयल्या आनी हो सण दर एकल्याच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें मागला.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, ईद-उल-फित्र सणान पवित्र रमाजान म्हयनो सोपता. रमजान म्हयन्यात मुसलमान भांव रोझा पाळटात आनी नेमान प्रार्थना करतात.

ईद-उल-फित्र सणाच्या शुभ प्रसंगार आमी सगळ्यांनी सलोखो राखून आनी मानवी मुल्यांचो आदर करून राज्याच्या विकासा खातीर काम करूया.

हांव गोंयच्या लोकांक ईद-उल-फित्र सणाची परत एक फावट परबीं भेटयता, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/196

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.